Date: 30/08/2026 प्रादेशिक खबरो 7;20 PM वाचपी: - प्राप्ती गांवकर

Panaji regional 30th August 2026 7:20 pm

मुखेल खबरो.

- दिवचल वीज कर्मचारी सहकारी पत संस्थेची 40वी वर्सपूर्ती आयतारा मनयली. ह्या कार्यावळींत मुखेलमंत्र्याच्या हस्तुकी निवृत्त कर्मचाऱ्यांचो भोवमान जालो.
- 10 ऑक्टोबराक गोंयांत ‘नॅशनल पॅलिअटिव्ह केअर कन्व्हेंशन 2.0’ घडोवन हाडटले.
- पर्वरी उड्डाणपुलाचें उक्तावण ९ सप्टेंबराक केंद्रीय येरादारी आनी रस्तो म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांच्या हस्तुकी जातलें.

Desk 71

"भुरगीं शिकून उंचेल्या पदांचेर पावल्यार पालकांचे जिवीत अर्थपूर्ण जाता" अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी म्हणला. दिवचल वीज कर्मचारी सहकारी पत संस्थेच्या उत्सवांत मुखेल अतिथी म्हणून ते उलयताले. दिवचल वीज कर्मचारी सहकारी पत संस्थेची 40वी वर्सपूर्ती आयतारा मनयली. ह्या कार्यावळींत निवृत्त कर्मचाऱ्यांचो भोवमान केलो आनी धावी बारावी परिक्षा पास जाल्ल्या वीज कर्मचाऱ्यांच्या गुणवंत विद्यार्थ्यांचो भोवमान केलो. दिवचलचे आमदार दोतोर चंद्रकांत शेट्ये या कार्यावळिक हाजीर आशील्ले.

Desk

तांतयां घालपी कुल्ल्यो आनी दर्यादिगेवेल्या जीवांची राखण करपा खातीर गोंयांत संवर्धन मोहीम सुरू जाल्या. आय. सी. ए. आर.-सेंट्रल कोस्टल एग्रीकल्चरल रिसर्च इन्स्टिट्यूटान गोंयभरांतल्या नुस्तेकारांक, विक्रेत्यांक, आनी गिरायकांक तांतीं व्हरपी मादी कुल्ल्यांक वळखुन तांच्या सैमीक राबित्यांत परत सोडपाचे आवाहन करून एक लक्षीत संवर्धन मोहीम सुरू केल्या. एक तातया घालपी क्रॅब शेंकड्यांनी हजार ते कितलेशेच लाख तांतयां व्हरूंक शकता, ह्या कुल्ल्यांक तातया घालचे पयलीं धरल्यार गोंयच्या मुखामळाचेर आनी खारफुटीच्या पर्यावरणांत गंभीर परिणाम जावक शकता. आय. सी. ए. आर.-सेंट्रल कोस्टल एग्रीकल्चरल रिसर्च इन्स्टिट्यूटान सुरू केल्ल्या ह्या मोहिमेंत नुस्तें धरपी समुदायांत जागरूकताय निर्माण करून पुराय दर्यादिगेवेल्या तालुक्यांत वळख सामग्री वांटपाचेर लक्ष केंद्रीत केलां. टिकाऊ उत्पादन कार्यशाळे वेळार ह्या उपक्रमाक तेंको दिवन मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी सगळया भागधारकांक प्रजनन करपी कुल्ल्यांचे सेवन टाळपाचें आवाहन केला.

Desk

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत साखळेच्या रवींद्र भवनांत जाल्ल्या 'मन की बात’ कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले. प्रधानमंत्री श्री नरेंद्र मोदीचें मन की बात भाशण ह्यावेळार समक्षेपित  केल्ले.

ह्या कार्यावळीक लोकांची व्हड प्रमाणांत हाजीरी पळोवपाक  मेळ्ळी.

rashmi

पर्वरी उड्डाणपुलाचें उक्तावण ९ सप्टेंबराक केंद्रीय येरादारी आनी रस्तो म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांच्या हस्तुकी जातलें. उपरांत ११ सप्टेंबराक दनपारच्यान ४ वरांच्यान, उड्डाणपूल भौशिक येरादारीखातीर उक्तो करपाचें आसा, अशी माहिती भौशिक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी दिली. सुमार साडेपाच कि.मी. लाम्बयेचो हो उड्डाणपूल गाडयांखातीर उक्तो जाल्या उपरांत पणजी-म्हापसा महामार्गाचेर जावपी येरादारी कोंडी मोठ्या प्रमाणार कमी जावपाची शक्यता आसा. सुमार ६४१ कोटी रुपयां खर्चान हो उड्डाणपूल आनी जोडरस्ते बांदून तयार केल्यात. कामत हांणी आयताराक घेतिल्ल्या पत्रकार परिषदेंत ही माहिती दिली. ह्या वेळार पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे आनी आमदार केदार नाईक हेय उपस्थित आशिल्ले. ९ सप्टेंबराक सांजवेळार ६ वरांचेर मॅजेस्टिक हॉटेलालागीं फीत कापून उड्डाणपुलाचें उक्तावण जातलें. ताचे उपरांत पुलाचेरच उक्तावणाची कार्यावळ जातली. इतलेमजगती आदल्या दोन दिसां, म्हणजेच ७ आनी ८ सप्टेंबराक, लोकांक उड्डाणपुलाचेर चलोन वचुन पुल पळोवपाक मेळटलो. सेल्फी काडप, पूल पळोवप तशेंच वॉकेथॉन सारक्यो उपक्रम ह्या दोन दिसांनी पुलाचेर आयोजीत करतले अशे म्हणला.

Subhash 141

भारतीय वैद्यकीय संशोधन शिक्षण मंडळान ९वी ते १२वीच्या विद्यार्थ्यां खातीर 'shine' ही राश्ट्रीय पांवड्यावेली तांक सर्त आयोजीत केल्या. 'विकसित भारत २०४७ खातीर तरणाट्यांमदे वैज्ञांनीक उत्सुकताय निर्माण करप' ही या सर्तीची मुखेल संकल्पना आसा. गोंयच्या शिक्षण संचालनालयान परिपत्रक जारी करून राज्यातील सगल्यो सरकारी, सरकारी अनुदानित, खाजगी आनी खाशेल्या हायस्कूल तशेंच हायर सेकेंडरीच्या प्रमुखांक तांच्या विद्यार्थ्यांक या सर्तीत वांटो घेवपाक प्रोत्साहन दिवपाविशी कळीत केलां. या सर्तीत वांटो घेवपा खातीर कसलेच प्रवेश शुल्क ना. विद्यार्थ्यांनी लोक भलायके संबंदी खंयचीय एक समस्या वळखून ताचेर वैज्ञांनीक नदरेन सोद लावून उपाय सादर करपाचे आसात. ही नोंदणी इंग्रजी वा भारतीय संविधानांतल्या २२ मान्यताप्राप्त भासां मदीं कोंकणी सयत करूंक मेळटली. विद्यार्थ्यांक २ पानांचे PDF दस्तावेज तयार करून शालेय नोडल अधिकाऱ्या वरवीं ICMR च्या पोर्टलार अपलोड करचे पडटले. या सर्ती खातीर अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीख ११ सप्टेंबर २०२६ आसा. सर्ती संबंदीत चड म्हायती खातीर shine.icmr.org.in ह्या संकेतथळाक भेट दीवंची

ह्यो खबरो तुमी आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागावर्वी आयकतात.

Rashmi 86

रिव्होल्युशनरी गोवन्स पक्षान आपल्या राज्य कार्यकारी समितीची फेररचना केल्या. शविना नाईक शिरोडकर हांची पक्षाच्या नव्या अध्यक्षपदाचेर नियुक्ती केल्या. जाल्यार विपिन नाईक हें उपाध्यक्ष म्हणून काम पळयतले, मेल्विन डिसील्व्हा आनी प्रेमानंद गावडे हांची सरचिटणीस आनी संघटक सरचिटणीस म्हणून निवड जाल्या. जयेंद्रथ पाडोलकर हांची सचिवपदाचेर, तर कॅन्डिडो कोरिया हांची खजिनदार म्हणून नियुक्ती जाल्या. २०२७ च्या विधानसभा निवडणुका दोळयांमुखार दवरून पक्षान तयारी वेगान सुरू केल्या. चवथी पयलीं सगळयो जिल्हा आनी ब्लॉक समित्यो स्थापन करपाचे काम पुराय करपाचो निर्णय पक्षान घेतला. तशेंच गोयभर सदस्यत्व मोहीम सुरू करपाची तयारी पक्षान केल्या.

Desk 60

शारी उदरगत मंत्री विश्वजीत राणे हाणी गोंय राज्य शारी उदरगत खात्याच्या फुडारपणाखाला आल्त बेतीच्या विद्या एन्क्लेव कॉलनींत उक्त्या भौशीक सुवातेच्या उदरगती खातीर बुन्याद घाली. थळाव्या रहिवाशांक आर्विल्ल्यो मनरिजवणेच्यो सुविधा

आनी बरी भौशीक सुवात दिवन सामुहीक मुळावी बांदावळ वाडोवपा खातीर हो प्रकल्प तयार केला. ह्या सुवाळयाक साळगावचे आमदार आनी गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळाचे  अध्यक्ष केदार नायक आनी हेर लोक हाजीर आशिल्ले.

Subhash 90

बीटस् पिलानी गोंय कॅम्पसान झुवारीनगर - झरी वाठारांत रावपी आर्थिक नदरेन मागाशिल्या विद्यार्थ्यांखातीर काल एक खासा शिक्षणीक कार्यावळ घडोवन हाडिल्ली. के के. बिर्ला गोंय कॅम्पसालागीं रावपी झरी वाठारांतल्या लमाणी कॉलोनीतल्या सुमार देडशी  भुरग्यांनी ह्या कार्यावळीचो लाव घेतलो. तांकां प्रात्यक्षिकां, प्रयोग आनी प्रकल्प प्रदर्शनांच्या आधारान विज्ञानाची वळख करून घेवपाची संद मेळ्ळी. BITS च्या 'निर्माण संस्था गोंय विभागान ह्या कॅम्पसात 'एड्युस्पार्क २०२६' कार्यावळीचो वांटो म्हूण हो वर्सुकी विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मेळावो घडोवन हाडलो. एड्यूस्पार्क कार्यावळीत विज्ञानाच्यो संकल्पना भुरग्यांक सोप्यो आनी रोचक तरेन समजच्यो, या खातीर विंगड-विंगड प्रयोग, प्रात्यक्षिकां आनी प्रकल्प दाखयले.

Desk 95

10 ऑक्टोबराक गोंयांत ‘नॅशनल पॅलिअटिव्ह केअर कन्व्हेंशन 2.0’ घडोवन हाडटले.

नॅशनल असोसिएशन ऑफ पॅलिएटिव्ह कॅर फॉर आयुष अँड इंटिग्रेटिव्ह मेडिसीनाचो गोंय विभाग शेनवार, 10 ऑक्टोबराक टर्मिनल बँक्वेट, काकुलो मॉल, सेंट इनेझ-पणजी हांगासर  'नॅशनल पॅलिएटिव्ह कॅर कन्व्हेन्शन 2.0' चे आयोजन करतलो. संस्थेच्या अध्यक्षा दोतोर  स्नेहा भागवत आनी आदले अध्यक्ष दोतोर वल्लभ धायमोडकार हांणी ही म्हायती दिली. संवसारीक हॉस्पीस आनी पॅलिएटिव्ह केअर दीस 2026 ह्या दिसा हे परिशदेचें आयोजन जाता. Pain Management – An Essential Part of Palliative Care"हो ह्या परिशदेचो विशय आसा ही परिशद दुयेंसांनी पिडिल्ल्या दुयेंतींच्यो समाजीक, भावनीक आनी आध्यात्मीक गरजो पुराय करपाचेर लक्ष केंद्रीत करतली.

खेळ

आदलो जैतिवंत पंगड जर्मनी आयज सांजवेळा बेल्जियमांतल्या वाव्हरे हांगाच्या बेल्फियस हॉकी अँरेनाचेर दादल्यांच्या FIH हॉकी वर्ल्ड कप 2026 निमणे सर्तींत स्पेना आड खेळटलो. हो खेळ भारतीय वेळा प्रमाण सांजवेळा 8 वरांचेर सुरू जावपाचो आसा.

हवामान

भारतीय हवामान खात्याच्या पणजी वेदशाळेन दिल्ल्या अदमासा प्रमाण, चडान चड तापमान ३0 अंश celcius आणि उण्यात उणे तापमान 24 अंश celcius अशे नोंद जाला.

परतून एक फावट काय मुखेल खबरो.

- दिवचल वीज कर्मचारी सहकारी पत संस्थेची 40वी वर्सपूर्ती आयतारा मनयली. ह्या कार्यावळींत मुखेलमंत्र्याच्या हस्तुकी निवृत्त कर्मचाऱ्यांचो भोवमान जालो.
- 10 ऑक्टोबराक गोंयांत ‘नॅशनल पॅलिअटिव्ह केअर कन्व्हेंशन 2.0’ घडोवन हाडटले.
- पर्वरी उड्डाणपुलाचें उक्तावण ९ सप्टेंबराक केंद्रीय येरादारी आनी रस्तो म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांच्या हस्तुकी जातलें.